**Panaji Regional News**

**17 may 2026, 7.20pm**

**रोहन खंवटे**

गोयांत पर्यटण मुळाव्यो सुविधा अदीक सक्षम करपा नदरेन पर्यटण मंत्री रोहन खंवटे हाणी आयज दक्षीण गोंयांतल्या केळशी आनी बाणावले दर्यावेळांक भेट दिली. आनी थंयच्या प्रस्तावीत उदरगतिच्या कामांची पळोवणी केली. दर्यावेळांवयलो पादचारी मार्ग, सुशोभीत करणाखातीर थारायल्ल्यो सुवाती, भोवशीक स्वच्छताघरां, तशेंच हेर सुविधांची ताणी पळोवणी केली. हे वेळार पर्यटण संचालक केदार नायक, थळावे गांवकार,शॅक मालक संघठणेचे प्रतिनिधी आनी पर्यठण खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. बाणावले पर्यठण मंत्र्यानी नूस्तेंमारीचीय,उदका खेळ वेवसाया कडेन संबंधीत वांगडी आनी शॅक मालक हांचे कडेन संवाद सादून पर्ठण वेवसाय, नितळसाण,आनी थळाव्यांच्या उप जिविकेकडेनसंबंदीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर ताणी चर्चा केली.गोंय हें देसांतलें मुखेल पर्यठण केंद्र आसून पर्यटकांक अदीक बर्यो सुविधा दिवपा खातीर सरकार बांदील आसा अशें मंत्री रोहन खंवटे हाणी सांगलें. बाणावले दर्या देगेर ताणी जेट स्की रायडाचोय अणभव घेतलो.

**गोंय राज्य फार्मासी**

गोंय राज्य फार्मासी कावंसील आनी गोंय राज्य विभाग तशेंच फोंडें इंडीयन फार्मासिटीकल असोसिएशन कम्युनीटी फार्मासी विभाग हांच्या जोड पालवान आयज फोंडेंच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत फार्मासिश्टां खातीर प्रादेशीक अधिवेशन घडोवन हाडलें. अधिवेशनाचें उग्तावण अन्न आनी वखदां प्रशाससनाच्यो संचालिका श्वेता देसाय हांचे हस्तुकीं जालें. हे वेळार वेदीचेर अधिवेशन आयोजन समितीचे अध्यक्ष डो.राज वैद्य आनी सचीव रत्नदीप कुडतरकार हाजीर आशिल्ले."वेवसायावरवीं उदरगत हे संकल्पनेचेर फार्मासिश्ट प्रोडक्टस " ह्या विशयाचेर आदारीत हें अधिवेशन जालें. अधिवेशनांत गोंय महाराष्ट्र, आनी कर्नाटक राज्यांतले फार्मासिश्ट,फार्मासी मालक तशेंच होस्पीटेलीटी फार्मासिश्ट हांचे सयत सुमार 450 फार्मासिश्ट वांटेकार जाल्ले.देसांत कम्युनिटी फार्मासिच्या सरावाचो दर्जो वाडोवप,भोवशीक भलायकेंत आनी वखदांच्या जापसालदार वापरांत फार्मासिश्टांची भुमिका अदीक प्रभावी करप,दुयेतिंच्या सेवेची पावंडो सुदारप हीं ह्या अधिवेशनाची मुखेल उध्दिश्टां आशिल्लीं.

**हॅपी स्ट्रीट**

मनोहर पर्रीकर सेवा केंद्राच्या 23 व्या फावंडेशन दिसाच्या निमतान आयज म्हापशां भुरग्यांखातीर हॅपी स्ट्रीट कार्यावळ घडोवन हाडली.कार्यावळ सकाळीं स वरांचेर म्हापशेंच्या पुलीस स्टेशनांत सुरू जाली. कार्यवळीक नामनेचे गायक तशेंच कलाकार अमोल बावडेकर मुखेल सोयरे ह्या नात्यान हाजीर राविल्ले. संबंदीत कार्यावळींत 14 वरसां पिरायेंत खालच्या भुरग्यांखातीर तरेकवार खेळांसर्ती तशेंच सांस्कृतीक कार्यावळींचो आस्पाव आशिल्लो.

**घरमंत्री**

केंद्रीय घरमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी ए आय आनी डीप टेक, हे फुडाराचे अर्थवेवस्थेचे मुखेल खांब अशें म्हणलां. गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत आयज 'मिलियन माइंड्स टेक पार्क-फेज 1' आनी 'ग्रेमी सिटी कॅम्पस' हांचें उक्तावण करतना ते उलयताले. दोन दिसांच्या गुजरात भेटीचेर आशिल्ले श्री शाह आयज गांधीनगरांतल्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डिझायनाच्या इनोव्हेशन अँड इनक्युबेशन सेंटराचेंय उक्तावण करतात . तशेंच गांधीनगर पालिका म्हामंडळाच्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या वावरांचें उक्तावण करून तानी बुन्याद फातर घातले. गांधीनगर जिल्लो सहकारी दुद उत्पादक संघ लिमिटेड, मधुर डेरीच्या नव्यान बांदिल्ल्या पांच लाख लिटर क्षमतेच्या संयंत्राचें ते उक्तावण करतले.

**अश्विनी वैष्णव**

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज बेंगळुरू आनी मुंबय हांचे मदीं सुरु केल्ल्या नव्या एक्सप्रेस रेल्वे सेवेक बावतो दाखयलो . ह्या रेल्वेक लागून कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांचे मदीं रेल्वे संपर्क वाडलो. ह्या वेळार उलयतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें, दक्षिण आनी उत्तर कर्नाटकांतल्या लोकांची बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ली मागणी आतां पुराय जावपाक लागल्या. तशेंच बेंगळुरू आनी मुंबय हांचे मदीं वंदे भारत स्लीपर सेवा बेगीन सुरू जावपाची शक्यताय आसा अशें तांणी जाहीर केलें.

**आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दिस**

आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दिन 2026 निमतान पणजी Goa Science Centre आणि Directorate of Museums हांचा जोडपालव 16 ते 18 मे मेरेन विविध कार्यवालींचे आयोजन केला. हैरा वर्साची संकल्पना "Museums Uniting a Divided World" अशी असून संग्रहालयांच्या माध्यमातल्य्यान सांस्कृतिक संवाद, समन्वय आणि शांततेचो संदेश दिवपाचेर दिला..ह्या निमतान "My Own Collection" या प्रदर्शनात गोव्यातल्या 25 हौशी संग्राहक आपल्या दुर्मीळ वस्तूंचे प्रदर्शन मांडतात. नाणी, टपाल तिकिटे, पुरातन वस्तू, जीवाश्म, चित्रकला, खेळणी, दुर्मीळ पुस्तके आणि व्हिंटेज वस्तूंचो हातून आसपाव आसा. हे प्रदर्शन 18 मे मेरेन सकाळी 10 ते सांजे 5.30 खुले मेरेन उक्ते आसतले.16 मे दिसा इतिहासतज्ज्ञ प्रजल साखरदांडे हांचे व्याख्यान आयोजित केला . तर 18 मे दिसा. मुख्यमंत्री Pramod Sawant यांच्या हजेरेन समारोप सुवाल्लो जातलो.

**राम मोहन नायडू**

नागरी हवाई येरादारी मंत्री राम मोहन नायडू हाणी आयज, दिल्ली सरकारान हवाई टर्बाइन इंधनावयलो मूल्यवर्धित कर (व्हॅट) २५ टक्क्यांवय्ल्यान ७ टक्क्यांमरेन उणो करपाचो वेळार निर्णय घेतलो म्हण सरकारचे कौतुक केले. सोशल मीडिया पोस्टत , श्री. नायडू हाणी म्हटला की, हवाई वाहतूक क्षेत्र जागतिक पावडयचेर परिचालन आनी खर्चाच्या दबावाक तोंड दित आसा. अशा वेळर राज्य सरकारान उख्लील्ले अशे सक्रिय पावल विमान कंपन्यांक खूप गर्जेचो आधार दितले . आणि प्रवाशांक विमान प्रवास परवडपी करपाक मजत करतले..

**Football**

Mount carmel  करंडक फुटबाल सार्तीन paddecha फादर आग्नेल Y.S.C न असोल्देचा सेंड . अंथोनी  सपोर्ट क्लूबचेर टाय ब्रेअकर पधतीन 2-आड 0 गोलानी जैत मेळयत सर्तीचे वास्ततत्पण जोडले. नावेलीचा rosary चर्चीचा मैदानाचेर जल्लो हो खेळ ठराविक वेळेन गोला  विणे   बदा बाद उरलो .उपरांत सर्तीचो वस्तत   थारावपाखातीर  टाय पद्धत आपणायली. तातुन जैतीवंता वतीन रायन मिनेझिस आनी सेल्बिवन फेर्नांडीस हाणी गोल केले.

**हवामान**

हवामान खात्यान आयज नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान। 34.6 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे। 29.2    अंश सेल्सिअस तापमानाची नों द जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड।34.2   अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे।  27.8    अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान।   34    ते।  35 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान। 24     ते। 25     अंश  सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा.तापमान सरासरीपरस चड वाडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान लोकांनी जतनाय घेवची, वतांत चड भायर सरचें न्हय, सुती कपडे वापरचे, वता सावन तकलेचें संरक्षण करचें असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.विविध वातावरणीय बदलक लागून गोयांत १७ ते १९ मे मजगती जोगला आनी गडगड मारून पावस पद्पाची शक्रताय आसा.तेच प्रमाण हवामान खात्यान गोयात आयज पावसाखातीरचो येल्लो alert  जरी केंला.